## मुख्यमंत्र्यान एलपीजी सिलिंडर रिफिलिंग आर्थिक मदत येवजणेचो शुभारंभ केलो

ता. 1 सप्टेंबर 2023

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजे नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत आयोजीत कार्यक्रमात मुख्यमंत्री एलपीजी सिलिंडर रिफिलिंग आर्थिक मदत येवजण 2023 चो शुभारंभ केलो.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी हे येवजणेखाला पात्र लावधारकांक एलपीजी सिलिंडर रिफिलिंगाचेर म्हयन्याक 275 रूपयां अनुदान मेळटले. तशेंच सगळ्यां लावधारकांक अनुदानीत दरान साखर दितले, अशें जाहीर केले. "अंत्योदय" तत्वाचेर लोकांमेरेन अत्यावश्यक सेवा आनी येवजणो पावोवपाक सरकार कटीबद्द आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक हांणी अशा उपक्रमांवरवीं सरकार महिला वर्गाक सक्षम करपाचेर भर दिता, अशें सांगलें. मुख्यमंत्री एलपीजी सिलिंडर रिफिलिंग आर्थिक मदत येवजणे वरवीं गोंयच्या बायलांचे जीवनमान सुदारपाक मदत जातली, अशी आस्त तांणी व्यक्त केली.

कार्यक्रमात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं विविध तालुक्यातल्या 60 लाभार्थ्यांक मंजुरी पत्रां भेटयली.

नागरी पुरवण मंत्री श्री रवी नाईक, नागरी पुरवण सचीव श्री संजित रॉड्रिग्स, संचालक श्री गोपाळ पार्सेकर आनी लाभार्थी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

कार्यक्रमाचें सूत्रसंचालन श्री. प्रदीप नाईक हांणी केले जाल्यार नागरी पुरवण संचालक गोपाळ पार्सेकर उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/686

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.